19th June 2026 7.25am

आकाशवाणी पणजी,

रश्मी -

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल पणजी पुलीस मुख्यालयाच्या नव्या, संकुलांखातीर बुनयादी फातर घालो. ह्या इमारतीचे बांधकाम गोंय साधन सुविधा उदरगत म्हामंडळ करता. ह्या प्रकल्पाखातीर 45 पूज्य 62 कोटी रूपया, सरकार खर्च करता. ह्या नव्या इमारतीक लागुन गोय पुलिसांक, आधुनिक मुळाव्यो सुविधा, अत्याधुनिक तंत्रज्ञान आनी लोकाभिमुख प्रशासकीय व्यवस्था मेळटली, अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

ह्या कार्यावळी वेळार मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकी, गोय पुलिशेक 97 मोटरसायकली वाटल्यो. ह्या मोटरसायकलींचो राज्यभर गस्त वाडोवपाक उपेग जातलो, आनी आपत्कालीन परिस्थितींत बेगोबेग प्रतिसाद दिवप सोपें जातली, अशे मुखेलमंत्र्यानी म्हणला.

गणेश -

फ्लॅट नावार करपा खातीर १५ दिसां भितर 'म्हजें घरा' भशेन म्हजो फ्लॅट येवजण येतली, अशी घोशणा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केल्या. मेरशे सहकार सेवा भवनाच्या उक्तावणा उपरांत, मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत उलयताले. ह्या वेळार सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार, सांताक्रुझ मतदारसंघाचे आमदार रुडोल्फ फर्नांडीस, सहकार निबंधक आशितोष आपटे आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. लोकांक स्वताचें घर घेवप कठीण आशिल्लें. ताका लागून लोकानी तयार फ्लॅट घेतले. लोकानी बिल्डराकडल्यान फ्लॅट विकतो घेतलो मात, अजूनय तो फ्लॅट नांवार ना. फ्लॅटाचे दस्तावेज नात. तांचे कडेन फकत भागधारक प्रमाणपत्रां आसा, ना जाल्यार प्रतिज्ञापत्राचे कागद आसात. इमारत ४० वर्सां पोरणी जावन लेगीत, सुवात खऱ्या धनयाच्या नांवार आसा आनी इमारत बांदपी बिल्डर गोंयांत ना. हे खातीर सहकार निबंधक, सहकार सचीव आनी महसूल सचीव सुटसुटीत 'म्हजें फ्लॅट' येवजणेचेर काम करतात. १५ दिसांनी म्हजें घरा भशेन, म्हजो फ्लॅट येवजण तयार जातली, अशे मुखेलमंत्र्यांनी सांगले.

एनआयओ नायक -

नॅशनल इन्स्टिटट्यूट ऑफ ओशनोग्राफीत काल संवसारीक म्हासागर दीस मनयलो. म्हासागरांची राखण करपा खातीर सामुहीक यत्न करपाचो उलो, केंद्रीय नवीकरणीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी मारलो. जैवविविधताय संवर्धन तशेच धर्तरेचेर जिवीत तिगोवन दवरपा खातीर, दर्यांची म्हत्वाची भुमिका, हांचेर ह्यावेळार भर दिलो. दर्या हो फकत जमनी भोंवतणचे उदक न्हय तर धर्तरेचेर जिणेची बुन्याद आसा, अशे मंत्री नायक हाणी सांगले. ह्या कार्यावळीत म्हासागर दिसाचो एक भाग म्हूण, आयोजीत केल्ल्या सर्तींनी जैतिवंत जाल्ल्यांक, मंत्री नायक हाणी इनामां आनी प्रमाणपत्रां वितरित केलीं. एन.आय.ओचे संचालक सुनील कुमार सिंग हांणी दर्या विज्ञान आनी संशोधनाक मुखार व्हरपा खातीर संस्थेच्या चालू यत्नांविशी म्हायती दिली.

खेम राज -

प्राचीन कलाकुसरीच्यो परंपरा काळाच्या ओघात लुप्त जावपाचो भंय आशिल्या सांस्कृतिक फाटभुंयेर, खेम राज सुंद्रियाल हांची भारतीय हातमाग परंपरेचे संरक्षक म्हण वळख आसा. खेमराज हाणी नवी डिझाइन्स, विणकाम तंत्रा आणि कार्यपद्धतींचो अवलंब केला, जाका लागुन पानिपतच्या या हस्तकलेचो दर्जो उंच जावपाक मदत झाली. या वस्त्रांक देशांतर्गत आणि आंतरराष्ट्रीय बाजारपेठांनी व्हड मागणी मेळी. तांच्या ह्याच कार्या खातीर, तांका २०२६ वर्साचो भारताचो सर्वोच्च नागरी पुरस्कार 'पदमश्री' फाव जाला.

सुशांत -

मडगाव हांगाच्या गोमंत विद्या निकेतन हे संस्थेचो, तीन दिसांचो पंचमवेद नाट्य महोत्सव आयज सावन सुरु जातलो. हे संस्थेचे अध्यक्ष सलील कारे हाणी घेतिल्ले पत्रकार परिषदेत ही माहिती दिली. सर्गेस्त काशीनाथ दामोदर नायक हांचे यादिस्तीक या महोत्सवात, दोन मराठी आणि एक हिंदी नाटक सादर जातले. २१ जून मेरेन हो महोत्सव चालू आस्तलो.

सुभाष

कदंब येरादारी म्हामंडळान दिव्यांग व्यक्तींखातीर आपली फुकट प्रवास येवजण आतां, आंतरराज्य बस सेवांखातीर लागू केल्या. पयलीं ही सवलत फकत गोंया भितर चलपी बसी पुरतीच मर्यादीत आशिल्ली, पूण ही नवी सुविधा १ जुना सावन अमलांत आयल्या.

खेळ

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान मनोहर पर्रीकर खेळां उत्कुष्टता केंद्रात आयज सांजेच्या 3.00 वराचेर 10 आनी 18 वर्सां पिराय गटांतल्या, चलें आनी चलयांचे पंगड निवडपा खातीर, निवड चाचणी आयोजीत केल्या.

वेदर

पणजी वेधशाळेन दिल्ल्या आदमासाप्रमाण राज्यांत फुडले 3 दिस उश्ण आणि दमट हवामान आसतले. राज्यांत सांजवेळार वा उपरांत हलको, पावस पडपाची शक्यताय आसा. वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान ३४.४ अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 2६.८ अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार